Panaji National 11th October 2025 8.40am

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत जावपी खाशेल्या शेतकी कार्यावळींत शेतकी आनी संबंदीत क्षेत्रांतल्या 42 हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या प्रकल्पांचे आनी येवजण्यांचे उक्तावण करतले, लोकार्पण करतले आनी बुन्याद घालतले.

मोदी शेतकी क्षेत्रांतले दोन मुखेल उपक्रम सुरू करतले: प्रधानमंत्री धन-धान्य योजना आनी दाळींनी आत्मनिर्भरताय मिशन.

केंद्रीय नागरी विमानन मंत्री राममोहन नायडू हांणी विमान कंपन्यांक सणासुदीच्या काळात विमान भाडें रास्त दवरचें असो उलो मारला.

आयसीसी बायलांच्या वनडे क्रिकेट विश्वचषकांत काल रातीं जाल्ले सर्तीच्या इकराव्या मॅचींत न्यूझीलंडान बांगलादेशाचेर 100 धांवड्यांनी जैत मेळयलें.

PM – 100

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत जावपी खाशेल्या शेतकी कार्यावळींत शेतकी आनी संबंदीत क्षेत्रांतल्या 42 हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या प्रकल्पांचे आनी येवजण्यांचे उक्तावण करतले, लोकार्पण करतले आनी बुन्याद घालतले. मोदी शेतकी क्षेत्रांतले दोन मुखेल उपक्रम सुरू करतले: प्रधानमंत्री धन-धान्य योजना आनी दाळींनी आत्मनिर्भरताय मिशन. प्रधानमंत्री मोदी शेतकारां कडेन संवाद सादतले. शेतकार कल्याण, शेतकी आत्मनिर्भरताय, ग्रामीण मुळावी बांदावळ घटमूट करपा खातीर सरकाराची सतत वचनबद्धताय ही कार्यावळ दाखयता.

ह्या वेळार, प्रधानमंत्री शेतकी, पशुपालन, नुस्तेमारी, आनी अन्न प्रक्रिया क्षेत्रांतल्या 5,450 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या प्रकल्पांचेंय उक्तावण आनी लोकार्पण करतले, तेच बरोबर सुमार 815 कोटी रुपयांच्या अतिरिक्त प्रकल्पांची बुन्याद घालतले.

Bihar NDA – 120

राष्ट्रीय लोकशाही आघाडी (एनडीए)च्या घटक पक्षां मदीं जाल्ली सुवात वांटपाची समजिकाय आयज निमाणी जावपाची शक्यताय आसा. दोन टप्प्यांच्या बिहार विधानसभा वेंचणुकेच्या उमेदवारांच्या नांवां विशीं चर्चा करपाखातीर आनी अंतिम निर्णय घेवपा खातीर आयज नवी दिल्लींत भाजपा कोर समितीची बसका जातली. हे बसकेची येजमानकी पक्ष अध्यक्ष जगत प्रकाश नड्डा चलैतले. तशेंच गृहमंत्री अमित शाह आनी हेर कोर समितीचे वांगडी भाजपाचे वरिश्ठ फुडाऱ्यां सयत हाजीर रावपाचे आसात. हे बसके उपरांत एनडीएच्या जाग्या वांटपाच्या समाजिकयेची घोशणा जावपाची शक्यताय आसा.

भारतीय जनता पक्षाचे बिहार प्रदेशाध्यक्ष दिलीप जयस्वाल णी प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना सांगलें, सुवाती वांटपा विशीं औपचारीक समजिकाय जाल्या आनी हे संबंदी आयज घोशणा जातली. राज्यांतली विधानसभा वेंचणूक दोन टप्प्यांनी जातली. पयल्या टप्प्या खातीर मतदान 6 नोव्हेंबराक जातलें, जाल्यार दुसर् या टप्प्याखातीर मतदान 11 नोव्हेंबराक जावपाचें आसा. 14 नोव्हेंबराक मतमेजणी जातली.

Civil aviation – 130

केंद्रीय नागरी विमानन मंत्री राममोहन नायडू हांणी विमान कंपन्यांक सणासुदीच्या काळात विमान भाडें रास्त दवरचें असो उलो मारला. प्रवाशांची सोय हे तांचे पयले प्राधान्य आसतले अशें विमान कंपन्यांनी आश्वासन दिलें आनी सणासुदीची मागणी पुराय करपा खातीर चड येरादारी आशिल्ल्या मार्गांचेर अतिरिक्त उड्डाण क्षमता तैनात करतले एयरलाइनानी सांगले.

नवी दिल्लींत जाल्ले म्हयन्याळी नियाळ बसकेत उलयतना नायडू हांणी सुरक्षेच्या नेमांक खर पाळो दिवपाचेर भर दिलो आनी प्रवाशांची सोय आनी सेवा दर्ज्याचेर विमान कंपन्यांक उत्तम पद्दती आपणावपाचो उलो मारलो. चडशा विमान कंपन्यां कडेन संवाद सादतना विमान कंपन्यांच्या कागाळी निवारण प्रक्रियेचोय नियाळ घेतलो आनी प्रवाशांच्यो कागाळी वेळार आनी दर्जेदार रितीन सोडोवपाचे निर्देश

दिले. तशेंच नागरी विमान येरादारी महासंचालनालयाच्या (DGCA) दर निरिक्षण युनिटाक विमान भाड्याचेर बारीकसाणेन नदर दवरपाक आनी विमान कंपन्यांनी जाहीर केल्ल्या टॅरिफ मर्यादेचे पालन सुनिश्चित करपाचे नायडू हांणी निर्देश दिले.

Mah – 120

महाराष्ट्रांत प्रधानमंत्री धन धान्य कृशी येवजणे खाला आज पुण्यांत राज्य पांवड्यावेली कार्यावळ जातली. हातूंत णव जिल्ह्यांचो आस्पाव आसा. जिल्हा मध्यवर्ती सहकारी बँकेच्या सभाघरांत राज्याचे कृशी मंत्री दत्तात्रे भरणे हांच्या येजमानके खाला हि कार्यावळ जातली. पालघर, रायगड, धुळे, छत्रपती संभाजीनगर, बीड, नांदेड, यवतमाल, चंद्रपूर, आनी गडचिरोली ह्या जिल्ह्ल्यांची ह्या उपक्रमाखातीर निवड जाल्या. शेतकारांची येणावळ वाडोवप, आत्मनिर्भरताय वाडोवप, पिकाची उत्पादकता घटमूट करप हो ह्या कार्यावळीचो हेत आसा. तशेंच पिकांच्या विविधीकरणाक प्रोत्साहन दिवप आनी आधुनीक शेतकी तंत्रज्ञानान शेतकारांक आदार दिवपाचेर भर दितले. ह्या जिल्ह्यांनी धान्य सांठोवप, प्रक्रिया करप, शिंपणावळ सुदारप, शाश्वत शेती, थळाव्यो रोजगार संदी निर्माण करप हाचेर लक्ष केंद्रीत करतले अशें मंत्र्यांनी सांगले.

Jaishankar 50

परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी भारत आणि अफगाणिस्तानान सगळ्या प्रकारच्या दहशतवादाचो आणि त्याच्या प्रकटीकरणाचो फुड़ो करपाक एकठाय काम करपाचे गरजेचेर भर दिला. Byte Terror

नवी दिल्लीत अफगाणिस्तानचे परराष्ट्र मंत्री मौलवी अमीर ख़ान मुत्ताक़ी हांचेकडे जाल्या भेटीवेळार तांणी सांगले, दोन्ही राष्ट्रांचो विकास आणि समृद्धीबाबत समान वचनबद्धता आसा. Byte Edu

Rajnath – 60

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी काल सिडनींत भारत-ऑस्ट्रेलिया संरक्षण उद्देग वेवसाय गोलमेज परिशदेंची ऑस्ट्रेलियेचे सहाय्यक संरक्षण मंत्री पीटर खलील हांचे बरोबर सह-येजमानकी चलयली. दोनूय देशां मदीं उद्देगीक भागीदारी आनी क्षमता

उदरगतीक चालना दिवपाचो हेतू ह्या गोलमेज परिशदेचो आशिल्लो. संरक्षण तंत्रगिन्यान, उत्पादन, आनी नवनिर्माणांतल्या संदींचो सोद घेवपाचेर चर्चा जाली आनी खासा करून 'मेक इन इंडिया' आनी 'आत्मनिर्भर भारत' हाजेर भर दिलो.
Byte

Deepika – 50

नामनेची फिल्म अभिनेत्री दीपिका पादुकोण हिची केंद्रीय भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयाची पयली मानसीक भलायकी राजदूत म्हणून नियुक्ती केल्या. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मंत्रालयान म्हळां दीपिकाक ही भुमिका दिल्लेखातीर सम्मान उक्तायला आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला भारतांत हे दिशेन चालू आशिल्ल्या यत्नांक आदार दिवपाची वचनबद्धताय उक्तायल्या.

Aakashwani – 40

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 oct आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.

IMD –30

हवामान खात्यान आज दक्षिण कर्नाटक, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकलात काय सुवातींनी उटनगराचो पावस पडटलो असो अदमास उक्तायला. ओडिशा, आंध्र प्रदेश, केरळ, माहे, नागालँड, मणिपूर, मिझोरम आनी त्रिपुरात घोग्यांनी पावस पडपाची शक्यताय आसा अशें खात्यान सांगलां.

Cricket – 20

आयसीसी बायलांच्या वनडे क्रिकेट विश्वचषकांत काल रातीं गुवाहाटीच्या बारास्पारा स्टेडियमाचेर जाल्ले सर्तीच्या इकराव्या मॅचींत न्यूझीलंडान बांगलादेशाचेर 100 धांवड्यांनी सोयीस्कर जैत मेळयलें.

Mah – 50

महाराष्ट्रचे येरादारी मंत्री प्रताप सारनायक हांणी काल मोटार वाहन एग्रीगेटर नेम, 2025 चो मसुदो जाहीर केलो, जाचो हेतू ओला, उबेर, आनी रॅपिडो ह्या ॲप आदारीत टॅक्सी सेवांनी शिस्त, पारदर्शकता, आनी प्रवाशांची सुरक्षीततताय हाडपाचो आसा. हे नेम ह्या म्हयन्याच्या 17 तारखे मेरेन लोकांच्या टिप्पणी खातीर उक्ते आसात, उपरांत ते लागू जातले.